17TH April 2026 7.25am

रघुनाथ माशेलकार -

आमच्या भारत देशान सगळ्यात मुखार वचुन, ह्या देशाकं लीड करपाक जाय, अशे मत नामनेचे संशोधक डॉ. रघुनाथ माशेलकार हाणी उक्तायले. विज्ञानाचो उपेग सर्वसामान्याची जीण सुलभ करपाक जावपाक जाय. तशेचं गोंय सरकाराखातीर व्हीजन डोक्युमेन्ट तयार करतना, गोंयची सर्वांगिण उदरगत जावची हो हावेस मतीत दवरुनुच काम करचे, अशे माशेलकर म्हणला.

नामनेचे संशोधक डा ॅ. रघुनाथ माशेलकार हांका मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी गोमंन्त गौरव पुरस्कार भेटयलो. गोवा चेंबर ऑफ कोमर्स अण्ड इंडस्ट्रीच्या जोडपालवान world peace universityन हो भौमान सुवाळो घडोवन हाडील्लो. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयोजीत केल्ली. डॉ. माशेलकार हांणी हो पुरस्कार, तांची आवय अंजनी माशेलकार हांका अर्पित केला.

ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, डॉ. रघुनाथ माशेलकार हांणी तयार केल्ली भलायकि मळावेली एक यंत्रणा, बेगीनुच गोंयच्या भलायीक मळार चालीक लावपाचे आसा, अशे म्हणला. ह्या भलयकी यंत्रणेवरवी १०० रुपयाच्या मोलात, १० मिनटात १० तऱ्हेचे टेस्ट करपाक मेळटले, अशी म्हायती तांणी दिल्या. ह्यावेळार world peace university आनी जीसीसीआय मदी industry- academia कबलात जाली. येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो, world peace universityचे अध्यक्ष राहुल कराड, आदीती कराड, नामनेचे उद्देजक यतीन काकोडकर, जीसीआयची अध्यक्षा प्रतीमा धोंड तशेंच हैर मानेस्त ह्यावेळार हाजीर आशील्ले.

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्देग-

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्देग उदरगत म्हामंडळान, राज्यांतल्या पारंपरिक कारागिरांक सक्षम करप आनी तांची उपजीविका सुदारपाच्या उद्देशान सुरू केल्ल्या, एका खासा कल्याणकारी उपक्रमा खाला, चामड्याच्यो वस्तूं तयार करपी, गरजू कारागिरांक आवश्यक हत्यारां आनी सामुग्री आशिल्ल्या किटाचे वाटप केले.

म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रवीण आर्लेकर हांणी लाभार्थ्यांक गरजेची साधनां आनी उपकरणां आशिल्ले किट वितरित केले. समाजातल्या गरीब आनी गरजू घटकांक मजत करपा खातीर आपली सदाच तयारी आसता. आनी हे किट वाटप म्हळ्यार तांच्या अर्थिक सक्षमीकरणाच्या दिकेन मारिल्ले एक पावल आसा, अशें आर्लेकर हाणी सांगलें.

अपंगत्व सर्वेक्षण-

अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान, 21 मार्च 2026 सावन अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचे दारांतल्यान दारांत सर्वेक्षण सुरू केला. तांची वळख करप, तांच्या गरजेचें मुल्यांकन करप, आनी तांकां वेगवेगळयो सरकारी येवजण्यो आनी सेवा दिवप, ह्या हेतान सांगे आनी दीवचल तालुक्यांनी, प्रायोगिक तत्वाचेर हें सर्वेक्षण सुरू केलां. फुडल्या पावड्यार, हेर तालुक्यांनी हे सर्वेक्षण चालीक लायतले.

Rashmi-

17 वर्सां सकयल्या चले आनी चलयां खातीर, बीच व्हॉलीबॉल सर्त 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन मिरामार बीचार जातली. भारतीय शाळा खेळां महासंघ आनी गोंयच्या खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या, ह्या कार्यावळींत 20 राज्यांतल्या 100 खेळगड्यांक वांटो मेळटलो. सकाळीं आनी सांजवेळाच्या सत्रांत, तीन दिस मॅची जातली, अशी म्हायती खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या. पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. खेळां संघटनांनी बीच व्हॉलीबॉलाक चालना दिवपा खातीर फुडाकार घेवचो. राज्यांत खेळाची उदरगत करपाखातीर गोंय सरकाराचो पुराय आदार, अशा खेळा संघटनांक मेळटलो, अशे मंत्री तवडकार हांणी ह्यावेळार सांगले.

Sports-

कुर्टी फोंडेच्या अजिंक्य चेस अकादमीन घडोवन हाडिल्ल्या बुध्दबळ सर्तींत सियान सिध्देश केरकार हाणे वस्तादपपण जोडलें. फोंडें तालुको बुध्दिबळ संघटनेच्या पालवान घडोवन हाडिल्ल्या हें सर्तींत केळबाय, कुर्टी, पिसगाळ आनी राय वाठारांतले सुमार 30 विध्यार्थी सर्तक वांटेकार जाल्ले. वस्ताद सियान केरकारान, पांच फैरयेंतल्यान 5 गुण मेळोवन ही सर्त जिखली. सर्तींत, जतीन गावडे हाका दुसरी सुवात, आरूष गावडे हाका तिसरी, वेदांत पिरवळकार हाका चवथी आनी रेयांश कुर्टीकार हाका पांचवी सुवात फावो जाली.

वेदर -

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.2 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25.5 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24 ते 25 अंश सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा. तापमान सरासरीपरस चड वाडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान लोकांनी जतनाय घेवची, वतांत चड भायर सरचें न्हय, सुती कपडे वापरचे, असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार